Panaji National 15th January 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत राष्ट्रकुल देशांच्या सभापती आणि पीठासीन अधिकाऱ्यांच्या २८व्या परिषदेचे उक्तावण करतले.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयचच्यान पंजाब आनी राजस्थानाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर वतल्यो.
- अरावली पर्वतरांगांचे संवर्धन आनी थंय बेकायदेशीर खणकाम बंद करपाक आपूण कटिबद्ध आसा अशें सरकारान सांगला.
- महाराष्ट्रांतल्या 29 महानगरपालिकां खातीर आज मतदान जाता.
- काल रातीं राजकोटांत जाल्ले दुसरे वनडे क्रिकेट मॅचींत न्यूझीलंडान भारताक सात विकेटींनी हारयलो.

PM-CSPOC – 90
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत राष्ट्रकुल देशांच्या सभापती आणि पीठासीन अधिकाऱ्यांच्या २८व्या परिषदेचे (CSPOC) उक्तावण करतले. लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला ह्या परिषदेची येजमानकी चलयतले. ४२ राष्ट्रकुल देशांचे आणि चार अर्ध-स्वायत्त संसदांचे ६१ सभापती आणि पीठासीन अधिकारी ह्या परिशदेक हाजीर आसतले.
घटमूट लोकशाय संस्था तिगोवन दवरपाक सभापती आनी पीठासीन अधिकारी हांची भुमिका सयत समकालीन संसदीय प्रस्नांचेर विस्तारान चर्चा जातली. संसदीय कामकाजात कृत्रिम बुद्धिमत्तेचो वापर, संसद वांगड्यांचेर सोशल मिडियाचो परिणाम,संसदेविशीची सार्वजनिक समज वाडोवपा खातीर आणि मतदानापलीकडे नागरिकांचो सहभाग वाडोवपा खातीर नाविन्यपूर्ण धोरणा हाज्या संयत अशा हेर विशयांचेरूय चर्चा जातली.

Pm 60
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल नवी दिल्लींत केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री एल मुरुगान हांच्या निवासस्थानार आयोजीत केल्ल्या पोंगल उत्सवांत

वांटो घेतलो. उपस्थितांक उद्देशून उलोवप  करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी राष्ट्र निर्मितींत शेतकार घटमूट भागीदार आसात आनी तांच्या यत्नांक लागून आत्मनिर्भर भारत मोहीम सशक्त जाता अशें म्हळें. शेतकारांक सशक्त करपा खातीर केंद्र बांधील आसा आनी हे दिकेन अथक परिश्रम घेता अशें तांणी मुखार म्हळें.

Byte –

Prez – 55

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान पंजाब आनी राजस्थानाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर वतल्यो. राष्ट्रपती मुर्मू आज अमृतसरांत गुरू नानक देव विद्यापिठाच्या 50व्या वर्सुकी दीक्षांत सुवाळ्याक उपस्थित रावतल्यो. शुक्रारा, राष्ट्रपती जालंधरात डॉ. बी. आर. आंबेडकर राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्थेच्या २१व्या दीक्षांत कार्यक्रमात उपस्थित रावतल्यो. त्याच दिसा जयपूरांत रामानंद मिशनान आयोजीत केल्ल्या 1008 कुंडीय हनुमान महायाज्ञात त्यो उपस्थित रावतल्यो.

Railway – 85

भारतीय रेल्वे देशांतल्या माल येरादारीची व्याख्या बदलत, वेगवान, विश्वासार्ह आणि परवडपी एंड-टू-एंड रेल्वे मालवाहतूक सुविधा उपलब्ध करून दित भारतीय रेल्वेने मालवाहतुकीत नवो विक्रम प्रस्थापित केला.

रेल्वे मंत्रालयान जारी केल्ल्या निवेदना प्रमाण, फाटल्या आयतारा डेडिकेटेड फ्रेट कॉरिडॉर (DFC) नेटवर्क आणि भारतीय रेल्वेच्या पाच विभागांदरम्यान एका दिसात एकूण ८९२ इंटरचेंज गाड्यांची हाताळणी केली. या आदीचो विक्रम ४ जानेवारीक ८६५ गाड्यांचो आशिल्लो.

मंत्रालयान सांगलें, हो वाटचिरो डेडिकेटेड फ्रेट कॉरिडॉर कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेड (DFCCIL) च्या वाढत्या कार्यक्षमतेचे, भक्कम नियोजन व्यवस्थेचे आणि सक्षम वाहतूक नियंत्रण प्रणालीचे प्रतीक आसा.

Maha – 90

महाराष्ट्रांतल्या 29 महानगरपालिकां वेंचणूके खातीर आज मतदान जाता. ह्या वेंचणुकांनी 893 प्रभागांतल्या वट्ट 2,869 जाग्यां खातीर 15,908 उमेदवार रिंगणात

आसात. 39,092 मतदान केंद्रांचेर मतदान जातलें, तातूंतले 3,196 मतदान केंद्र संवेदनशील म्हूण जाहीर केल्यात.
सकाळीं 7.30 मतदानाक सुरवात जाल्या. ते सांजे 5.30 मेरेन चलतलें, जाल्यार फाल्या मतमेजणी जातली.
ह्या वेंचणुकेंत बृहन्मुंबई महानगरपालिका, ठाणे, नवी मुंबई, पुणे, पिंपरी-चिंचवड, नाशिक, नागपूर, कल्याण-डोंबिवली, वसई-विरार, मीरा-भाईंदर, पनवेल, सोलापूर, कोल्हापूर, सांगली-मिरज-कुपवाड, अमरावती, अकोला, लातूर, नांदेड-वाघाळा, चंद्रपूर, जळगाव, धुळे, मालेगाव, भिवंडी-निजामपूर, परभणी, अहिल्यानगर, इचलकरंजी, जालना आणि छत्रपती संभाजीनगर महानगरपालिकांचो आस्पाव जाता.
Aravalli – 100
पर्यावरण, वन आणि हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी अरावली पर्वतरांगांच्या पर्यावरणीय संवर्धनाबाबत केंद्र सरकारची ठाम बांधिलकी परत अधोरेखित केली. अतिक्रमण आणि बेकायदेशीर खाणकाम आडावपा खातीर अरावली क्षेत्रातली सुमारे ९७ किलोमीटर महसुली जमीन कायमस्वरूपी संरक्षित वन म्हणून घोषित केल्या अशें तांणी सांगले. नवी दिल्लींत जाल्ल्या अरावली लँडस्केपाच्या पर्यावरणीय पुनर्स्थापना विशींच्या राष्ट्रीय परिशदेंत उलयतना तांणी देशभरांतल्या 2.6 कोटी हेक्टर इबाडिल्ल्या जमनीची पुनर्स्थापना करपाच्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मिशनाचेर भर दिलो. तसेच अरावली ग्रीन वॉल प्रकल्पा खाला 6 लाख 45 हजार हेक्टर इबाडिल्ली जमीन वळखून घेतल्या, तातूंतली गुजरात, राजस्थान, हरियाणा आनी दिल्ली राज्यांत 2 लाख 70 हजार हेक्टर क्षेत्राचे पुनर्संचयितीकरण केल्ल्याची म्हायती मंत्री यादवा हाणी दिल्या.
CGHS – 60
वित्तीय सेवा विभागान केंद्रीय सरकारी आरोग्य योजना - CGHS च्या लाभार्थ्यांखातीर परिपूर्ण मेडिक्लेम आयुष विमा येवजण सुरू केल्या. या विमा येवजणे खाला कॅशलेस उपचार सुविधा, आधुनिक उपचार पद्धती तसेच हॉस्पिटलांचे विस्तृत नेटवर्क उपलब्ध करून दिला. वित्त मंत्रालयान दिलेल्या माहिती प्रमाण, ही विमा पॉलिसी फक्त CGHS लाभार्थ्यां खातीर उपलब्ध असून एका पॉलिसीअंतर्गत चडांत चड स सदस्यांचो आस्पाव करूं येता.
Puri – 70

पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें, भारतान उर्जा स्वयंपूर्णतेच्या दिकेन एक वाटचिरो साध्य केला. सोशल मिडिया पोस्टांत पुरी हाणी म्हायती दिली की इंडियन ऑयल आनी भारत पेट्रो रिसोर्सेस लिमिटेड हांच्या जोड उपक्रमांतल्यान उर्जा भारत पीटीई लिमिटेड कंपनीन अबू धाबीच्या ऑनशोर ब्लॉक-1 हांगा हलक्या कच्च्या तेलाचो यशस्वी शोध लायला. अशी आंतरराष्ट्रीय भागीदारी भारताची उर्जा सुरक्षा आनीक घटमूट करतली अशें पुरी हांणी नमूद केले.

IMD – 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तराखंड आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात सामके दाट धुक्याचो ऑरेंज अलर्ट जारि केला. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत हिमाचल प्रदेश, बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, आसाम, मेघालय आनी सिक्किमात काय सुवातींनी दाट धुकें पडटले असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

Cricket – 60

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, काल राजकोतात निरंजन शहा स्टेडियमचेर जालल्या दुसऱ्या एका दिसाच्या खेळांत डॅरिल मिचेलच्या नाबाद १३१ धावंड्याच्या खेळीच्या नेटार न्यूझीलंदान ४७ पूर्णांक ३ षटकांत २८५ धावंड्याचे लक्ष्य गाठत भारताचेर सात गडी राखून घसघशीत जैत मेळयलें. ह्या जैता संयत तीन खेळांच्या माळेत न्यूझीलंडने १-१ अशी बरोबरी साधल्या. हे माळेतली तिसरी आनी निर्णायक मॅच 18 तारखेक इंदौरांत जातली.

WPL – 50

क्रिकेटांत निमाणे कडेन दिल्ली कॅपिटल्सान बायलांच्या प्रिमियर लीगांत आपले पयले गूण मेळयल्यात. नवी मुंबयच्या डी.वाय.पाटील स्टेडियमांत काल रातीं दिल्ली कॅपिटल्सान यु.पी.वॉरियरझ वुमन (UPW) पंगडाक 7 विकेटींनी हारयलो. तिनूय मॅचींनी पयलेच खेपे जैत मेळोवपा खातीर 155 धांवड्यांच्या लक्ष्यचो फाटलाव करपी कॅपिटल्सान निर्धारित 20 ओव्हरींनी 3 विकेटी वगडावन 158 धांवड्यो करून मॅच जिखली.